१८-०४-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो :

वक्फ (दुरुस्ती) कायदो, २०२५ अंतर्गत वक्फ बोर्ड वा केंद्रीय वक्फ परिषदेत फुडल्या सुनावणेमेरेन कसल्योच नव्यो नेमणूको जावच्यो नात, ह्या केंद्र सरकारच्या आस्वासनाची सर्वोच्च न्यायालयान नोंद घेतल्या.

मुर्शिदाबादेत वक्फ कायद्याआडच्या निदर्शनांवेळार जाल्ल्या हिंसाचारात विस्थापित जाल्या लोकांची वळख कळपाक आनी ताचे पुनर्वसन करपाखातीर कोलकाता उच्च न्यायालयान तीन वांगड्यांची समिती स्थापन केल्या.

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण, NEP 2020 प्रमाण, मराठी आनी इंग्लिश माध्यमांच्या शाळांनी यत्ता पयली ते पाचवीमेरेन हिंदी ही सक्तीची तिसरी भास आसतली अशी घोषणा महाराष्ट्र सरकारान केल्या.

आयज संवसारभर संवसारीक दायज दीस मनयतात.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती मुंबयत जाल्ल्या खेळात मुंबई इंडियन्स पंगडान सनरायझर्स हैदराबाद पंगडाक चार गड्यांनी हारयले.

क्रिकेट - ११०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती मुंबयत वानखेडे स्टेडियमात  जाल्ल्या खेळात मुंबई इंडियन्स पंगडान सनरायझर्स हैदराबाद पंगडाक चार गड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना सनरायझर्स हैदराबाद पंगडान ५ बाद १६२ धावंड्यो केल्ल्यो. अभिषेक शर्मान सगळ्यान चड ४० धावंड्यो केल्यो. हैद्राबाद पंगडान दिल्ले १६३ धावंड्यांचे मोख मुंबई इंडियन्स पंगडान १८.१ षटकांत पूराय केले. विल जॅक्स हांणे ३६ धावा तर हार्दिक पांड्यान २१ धावंड्यांचे योगदान दिले. विल जॅक्स हाका मॅन ऑफ द मॅच म्हूण घोषित केले.

आयज रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंजाब किंग्ज पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ बेंगळुरूच्या चिन्नास्वामी स्टेडियमात सांजे ७.३० क जातलो. दोनूंय पंगडाचे सध्या ६ खेळातल्यान आठ गुण जाल्यात. पूण ब-या रन रेटच्या आधाराचेर, आर सी बी गुणतालीकेत पंजाबपरस फुडे म्हळ्यार तिसऱ्या सूवातेर आसा.

प्रधानमंत्री बसका -  १४०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षपदाखाला यमुना न्हंयेच्या सद्यस्थितीचो नियाळ घेवपाखातीर आनी तिची नितळसाण आनी जिर्णोद्धार करप आनी फुडारातल्या येवजण्यांचेर चर्चा करपाखातीर एका व्यापक नियाळ बसका जाली.

काल नवी दिल्लीत जाल्ल्या बसकेत न्हंय नितळसाणीखातीर दरेका एजन्सीच्या कृती आराखड्याचो नियाळ घेतलो. तशेच गटार, घनकोयर आनी सांडपाणी वेवस्थापन, न्हयेतलो प्रवाह सुधारप, पूरग्रस्त वाठाराचे संरक्षण, न्हंयदेगेची उदरगत आनी भौशिक संपर्क हेखातीर करपाच्या कृतींचेर ह्यावेळार खासा चर्चा जाली. ह्या बसकेत, न्हंयेच्या हरियाणा विभाग आनी दिल्ली विभाग तशेच प्रयागराजमदल्या संगमामेरेनच्या प्रकल्पांविशी चर्चा जाली.

यमुनेची नितळसाण आनी जिर्णोद्धार तशेच दिल्लीतल्या पिवपाच्या उदकाची समस्या सोडोवपाखातीर एका बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळले अशें सोशल मीडिया पोस्टमध्ये प्रधानमंत्र्यांनी म्हळे. दिल्लीतल्या लोकांखातीर जागतिक दर्जाच्यो मुळाव्यो सुविधा आनी "जीण सुलभताय" सुनिश्चित करपाखातीर केंद्र सरकार दिल्ली सरकारावांगडा मेळोन एकठाय काम करतले, अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी म्हळे

ह्या बसकेक केंद्रीय घरमंत्री अमित शहा, जलशक्ती मंत्री सी.आर. पाटिल, दिल्लीच्यो मुखेलमंत्री रेखा गुप्ता आनी वरिष्ठ सरकारी अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

वक्फ सर्वोच्च न्यायालय - १००

वक्फ (दुरुस्ती) कायदो, २०२५ अंतर्गत वक्फ बोर्ड वा केंद्रीय वक्फ परिषदेत फुडल्या सुनावणेमेरेन कसल्योच नव्यो नेमणूको जावच्यो नात, ह्या केंद्र सरकारच्या आस्वासनाची सर्वोच्च न्यायालयान नोंद घेतल्या. मुखेल न्यायाधीश संजीव खन्ना

हांच्या फुडारपणाखालच्या खंडपीठान, न्यायमूर्ती संजय कुमार आन्नी के.व्ही. विश्वनाथन हांच्यासयत, सॉलिसिटर जनरल तुषार मेहता हांच्या आस्वासनाची लेगित नोंद घेतली. हेवरवी "वापरकर्त्यावर्वी वक्फ" म्हूण वर्गीकृत केल्ल्या मालमत्तांसयत विद्‌यमान वक्फ मालमत्तांची स्थिती सध्या अपरिवर्तित रावतले.तशेंच वक्फ कायदो 1995 च्या हालींच्या दुरुस्तीच्या घटनात्मक वैधतेक स्थगिती मागपी आनी घटनात्मक वैधतेक आव्हान दिवपी याचिकेच्या गटाक सात दिसां भितर प्रतिसाद दाखल करपाचो निर्देश सर्वोच्च न्यायालयान केंद्राक दिला.

आतां ह्या प्रकरणाची सुनावणी 5 मे दिसा जातली.

भारत- पाकिस्तान - ५०

तहव्वुर हुसेन राणा हाचे प्रत्यार्पण जाल्याउपरांत भारतान पाकिस्तानाक २००८ च्या मुंबई आतंकवादी हल्ल्यातल्याल गुन्यांवकारांचेर कारवाय करपाक सांगला. राणाचे प्रत्यार्पण पाकिस्तानाक याद करून दिता की मुंबई हल्ल्यातल्या हेर गुन्यांवकारांक आजून्ूंय संरक्षण दितात, तांचेर लेगित  कारवाय करपाक जाय, अशें काल नवी दिल्लीत खबराकारांक माहिती दिताना विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे म्हणयारे रणधीर जयस्वाल हांणी सांगले.

अस्तंत बंगाल - ८०

अस्तंत बंगाल भारतीय जनता पक्षाचे अध्यक्ष आनी केंद्रीय शिक्षण राज्यमंत्री डॉ. सुकांतो मुजुमदार हांणी राज्यपाल डॉ. सी.व्ही. आनंद बोस हांची भेट घेतली. फाटल्या सप्तकात मुर्शिदाबाद जिल्ह्यात जाल्ल्ल्या हिंसाचाराच्या मुद्द्याचेर काल कोलकातातल्या राजभवनात तांणी राज्यपाल आनंद बोस हांची भेट घेतली.

हिंसाचारपिडेस्त वाठारात बीएसएफचे जवान तैनात करपाची मागणी भाजपान हेवेळार केली. पक्षान दरेका बाधित परीवाराखातीर राज्य सरकाराची कायम नोकरी दिवपाचीय मागणी केली.

राज्यपालांनी ह्या प्रकरणात पूराय सहकार्य करपाचे आस्वासन दिले. मजगती, राज्यपाल डॉ. बोस आयज मुर्शिदाबादच्या अशांत वाठारांत भेट दितले.

अमित शाह - १६०

सशस्त्र दळांच्या त्याग आनी बलिदानाक लागून आयज देश सुरक्षित आसा, अशे घरमंत्री अमित शहा हांणी म्हळा. अमित शाह हांणी काल अबू रोड हांगासरल्या ब्रह्मकुमारी संस्थान मुख्यालयात सुरक्षा दळांच्या कार्यावळीत उलोवप केले. बर्फाळ वाठारात आनी ज्वलंत वाळवंटात देशाच्या शीमांची राखण करपाखातीर सुरक्षा दळ आपली जीण ओपतात. सशस्त्र दळांव्यतिरिक्त, सगळ्या राज्यांचे पोलिस लेगित अंतर्गत सुरक्षेत महत्त्वाचे योगदान दितात अशेंय अमित शहा हांणी सांगले.

संवसाराक वसुधैव कुटुंबकमच्या भावनेचो संदेश दिवपी भारत हो पयलो देश आसा. २१ जूनाक आंतरराष्ट्रीय योग दिन मनोवपाचे आवाहन करून प्रधानमंत्री मोदीं हांणी पूराय संवसाराक वैदिक परंपरा आनी योगाचे दायज दिले, अशेंय मंत्री शाह उलयले. आयज संवसारभरातले कोट्यांनी लोक योग आनी अध्यात्माकडेन जोडल्यात आनी तांची जीण सुधारत आसा. ही श्रद्धा येता त्या काळात जागतिक शांतीचो मार्ग मेकळो करतली अशेंय तांणी सांगले. ब्रह्माकुमारी संस्थेच्या कार्याचे तोखणाय करताना घरमंत्र्यांनी सांगले, संस्थेन त्याग, तपस्या आनी तेजस्वीपणाच्या माध्यमातल्यान संवसारभरात साधेपण, संयम आनी सहकार्याचे एक अद्भुत वातावरण निर्माण करपाचे काम केला. ह्या कार्यावळीत मुखेलमंत्री भजनलाल शर्मा आनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष मदन राठोड लेगित हाजीर आशिल्ले.

गुड फ्रायडे - ५०

आयज गुड फ्रायडे. प्रभु येशू ख्रिस्ताच्या खूर्सीचेर चडोवपाच्या यादीत हो दिस मनयतात. ह्या दिसा प्रभु येशून पूराय मनूश्यजातीक पापांपासून मुक्त करपाखातीर आपले जीवन अर्पण केले. गुड फ्रायडेच्या दिसा, लोक मनिसपण आनी परस्पर बंधुभाव घटमूट करपाची प्रतिज्ञा घेतात. प्रभू जेजूच्या पुनर्जल्माच्या निमतान आयतारा सावन इस्टराची परब सुरू जातली.

महाराश्ट्र - ४०

महाराष्ट्र सरकारान राष्ट्रीय शिक्षण धोरण, NEP 2020 प्रमाण, मराठी आनी इंग्लिश माध्यमांच्या शाळांनी यत्ता पयली ते पाचवीमेरेन हिंदी ही सक्तीची तिसरी भास आसतली अशी घोषणा केल्या. सध्या, ह्या शाळांनी यत्ता पयली ते चौथीमेरेन फकत मराठी आनी इंग्लिश भास सक्तिची आसा.

कोलकाता - ८०

मुर्शिदाबादेत वक्फ कायद्याआडच्या निदर्शनांवेळार जाल्ल्या  हिंसाचारात विस्थापित जाल्या लोकांची वळख कळपाक आनी ताचे पुनर्वसन करपाखातीर कोलकाता उच्च न्यायालयान तीन वांगड्यांची समिती स्थापन केल्या. न्यायालयाने म्हटले आहे की, राज्य कायदेशीर सेवा प्राधिकरणाच्या वांगडी सचिवां व्यतिरिक्त, ह्या समितीत राष्ट्रीय मानवी हक्क आयोग आनी बंगाल मानवी हक्क आयोगाचो प्रत्येकी एक वांगडी आसतलो. समितीक १५ मे मेरेन आपलो अहवाल सादर करपाचो आसा.

न्यायमूर्ती सोमन सेन आणि राजा बसू चौधरी यांच्या खंडपीठाने सांगितले की, १२ एप्रिलच्या आदेशानुसार, केंद्रीय सशस्त्र पोलिस दल मुर्शिदाबादच्या हिंसाचारग्रस्त भागात तैनात राहतील.

वंदना कटारिया - ५०

आंतरराष्ट्रीय हॉकीतल्यान निवृत्ती घेतल्या उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींकडल्यान मेळील्ल्या वैयक्तिक पत्राविशी भारतीय बायल हॉकी खेळगडे वंदना कटारियान मनाकाळजासावन उपकार मानल्यात. प्रधानमंत्र्यांकडल्यान हो भोवमान मेळप हो एक  अभिमानाचा खीण आसा, अशे वंदनान सोशल मीडिया पोस्टात म्हळा.

वंदना कटारियान १ एप्रिलाक आंतरराष्ट्रीय हॉकीतल्यान निवृत्तीची अधिकृत घोषणा केल्ली. वंदनाने ३२० आंतरराष्ट्रीय खेळात १५८ गोल करून इतिहासिक कामगिरी केल्या.

दायज दीस -

आयज संवसारभर संवसारीक दायज दीस मनयतात. ताका आंतरराश्ट्रीय स्मारक आनी स्थळांचो दीस अशेंय म्हण्टात. अंदूं हया दिसाचो विशय म्हणल्यार आपत्ती आनी संघर्शांतल्यान धोक्यांत आशिल्लें दायज.संस्कृतीक आनी सैमीक दायजाचो भोवमान आनी जतन  कररपाखातीर दर वर्सा 18 एप्रिल दिसा हो दीस मनयतात.

भारताच्या पुरातत्व सर्वेक्षणान आयज देशांतल्या सगळ्या संरक्षित स्मारकांक फुकट प्रवेश जाहीर केलो. देशांतल्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजा विशीं लोकांक जागृत करप आनी तांकां प्रेरणा दिवप हो हया उपक्रमाचो हेत आसा.

IMD – 90

आयज राजस्थानांत खर उश्ण वारें मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फुडले दोन-तीन दीस मध्य महाराष्ट्र आनी मराठवाड्यांत खर उश्णताय आसतली. जम्मू-काश्मीर, लदद्दाख, गिलगीत, बाल्टिस्तान, मुझफ्फराबाद आनी हिमाचल प्रदेशांत व्हड पावस पडपाची आनी बर्फवृष्टीची शक्यताय आसा. तशेंच आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोरम आनी त्रिपुरा ह्या वाठारांनी व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा. बिहार, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, उत्तर प्रदेश आनी झारखंडांत खर वारें आनी गडगड येवंक शकता. फुडले दोन-तीन दीस देशाच्या दक्षिण आनी उत्तर वाठारांनी तशेंच ईशान्य वाठारांनीय अशीच परिस्थिती उरतली असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

रॉबर्ट वाड्रा -

कथित जमिन वेव्हार प्रकरणात अमंलबजावणी संचालनालयान रॉबर्ट वाड्रा हांची जाप नोंद केल्या. नॅशनल हेराल्ड प्रकरणात भाजपान कॉंग्रेसीचेर खर टीका केल्या. हे भ्रश्टाचार आनी फटवणूकीचे प्रकरण आशिल्ल्याचे म्हळा.